**नागरी पुरवण खात्याच्या कागाळ नोंद करपाच्या पोर्टलाचो शुभारंभ**

ता. 7 सप्टेंबर 2021

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी काल सचिवालयातल्या आपल्या चेंबरात नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याच्या eDaakhil ह्या ऑनलायन गिरायक कागाळी नोंद करपाच्या पोर्टलाचो शुभारंभ केलो.

ह्या वेळार उलयताना श्री. गावडे हांणी गिरायकांक आपल्यो कागाळीं ऑनलायन नोंद करपा खातीर ई-पोर्टल तयार केल्ले खातीर एनआयसी च्या अधिकाऱ्यांचे अभिनंदन करून eDaakhil पोर्टलाचे म्हत्व सांगलें. आपली फटवणूक जावपी गिरायकांक ह्या पोर्टलावयल्यान कागाळ नोंद करपाक मेळटा, अशें तांणी सांगलें.

श्री. जी. म्हालिंगम हांणी ई-पोर्टलाची म्हायती दितना गिरायक, संबंदीत अधिकारी आनी वकीलांक कागाळींची नोंद घेवन आपलो जबाब वा प्रत्त्युत्तर दिवपाक सोयिस्कर जातले, अशें सांगलें.

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याचे सचीव संजय गिहार, संचालक सिध्दीविनायक एस. नाईक, एनआयसी चे अधिकारी ए. एन. मिश्रा, प्रशांत थेटे, गिरायक कागाळ निवारण मंचाचे अध्यक्ष प्रदीप सावयकार, सेबेस्तियान वालिस, वांगडी वर्षा बाळें आनी हेर वांगडी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

संचालक सिध्दीविनायक एस. नाईक हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो आनी पालवी संचालक फ्रँकलीन फेर्राव हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना / विगां/ 2021/760

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji